**पणजे पोरण्या सचिवालयात “कल्पक” प्रदर्शनाचे उकतावण**

ता. 26 फेब्रुवारी 2020

महाविद्यालयांचे विद्यार्थी आनी कल्पक बुद्दीच्या गोंयकारांनी विज्ञान, अभियांत्रीकी आनी कला आनी समाजशास्त्र विशयांचेर तयार केल्ल्या प्रकल्पांची म्हायती दिवपी “कल्पक” ह्या नवीन सोद प्रकल्प प्रदर्शनाचे उकतावण आयज पणजेच्या पोरण्या सचिवालयात जाले. उच्च शिक्षण संचालनालयान आयोजीत ह्या तीन दिसांच्या प्रदर्शनाचे उकतावण राष्ट्रीय तंत्रज्ञान संस्था, (एनआयटी) गोंयचे संचालक प्रो. डॉ. गोपाल मुगेराय हांचे हस्तुकीं जाले. ह्या वेळार उच्च शिक्षण संचालक श्री. प्रसाद लोलयेकर, मुखेल उलोवपी ग्वालेरच्या जिवाजी पिद्यापिठाचे आदले उपकुलगुरू प्रो. व्ही. सक्सेना आनी डॉ. विठ्ठल तिळवी हजर आशिल्ले. हे प्रदर्शन 28 फेब्रुवारी 2020 मेरेन लोकांखातीर सकाळी 10.00 ते सांजवेळा 5.00 मेरेन उकते आसतले.

ह्या वेळार उलयतना प्रो. मुगेराय हांणी म्हणले, शिक्षण हे आमच्या मदले ज्ञान वाडोवपाची प्रक्रिया आसपाक जाय. आयच्या ऑनलायन म्हायती तंत्रज्ञानाच्या युगात विद्यार्थ्यांमदी गोंदळाची परिस्थीती निर्माण जाल्ली आसा. शिक्षण आनी म्हायतीच्या अनेक माध्यमांतल्यान आमका खुप तरेचे ज्ञान उपलब्ध जाल्ले आसा, पुण प्रत्येकान जे कित्ये बरे आनी योग्य आसा ताचीच निवड करपाक शिकपाची गरज आसा. आमची आयची शिक्षण पद्दत आमकां जोखीम पत्करपाक तयार करीना. गोंय राज्य एक एज्युकेशन हब करपाचे आदले मुख्यमंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांचे सपन आशिल्ले आनी त्या खातीर तांणी गोंयात कांय बऱ्यो शिक्षण संस्थां हांडल्यों. गोंयच्या विद्यार्थ्यांनी गुणवत्तेच्या आदाराचेर ह्या शिक्षण संस्थांनी प्रवेश मेळोवचो आनी शिक्षणाखातीर भायर वचचे न्हय, अशें तांणी सांगले.

उच्च शिक्षण संचालक श्री. प्रसाद लोलयेकर हांणी आपल्या येवकाराच्या भाशणात विद्यार्थीक आपली कुशळताय दाखोवपाक आनी हेर कल्पक विद्यार्थीकडेन सोद प्रकल्पांविशींच्या म्हायतीचे दिवपघेवप करपा खातीर व्यासपीठ उपलब्ध करून दिवप हो ह्या प्रदर्शनाचो उद्देश आशिल्ल्याचे सांगून ह्या प्रदर्शनाच्या माध्यमातल्यान शिक्षणतंज्ञ, संशोधक आनी लोकांक एकाच व्यासपीठार येवपाची संद दिल्या, अशें तांणी सांगले.

श्रीमती सिध्दी उपाध्ये हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी निमणे उपकार मानले.

उपरांत ग्वालेरच्या जिवाजी पिद्यापिठाचे आदले उपकुलगुरू प्रो. व्ही. सक्सेना हांचे “जीवशास्त्राच्या जगात गणित” ह्या विशयाचेर व्याख्यान जाले. फाल्या ता. 27 फेब्रुवारीक BITS-Goa चे डॉ. देबाशिश पटनायक हांचे “गोंयातली शिक्षणीक आनी सामाजीक-अर्थीक सुदारणा” ह्या विशयाचेर आनी ता. 28 फेब्रुवारीक उच्च शिक्षण संचालनालयाचे डॉ. विठ्ठल तिळवी हांचे “विश्वातली अजापा” ह्या विशयाचेर सकाळी 11.00 वरांचेर व्याख्यान जातले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/183

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA